चिमी

दीपा मुरकुंडे

विश्व कोंकणी केंद्र ग्रंथालय • WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
Acc. No. 1135

1109
Short Story 7 Dev
DEE

चिमी

बरोवपी

दीपा दिनकर मुरकुंडे

श्री हरि प्रकाशन

L:B01-R03 (Dev.A)

CHIMI
A collection of Short Stories
Deepa Dinkar Murkunde

प्रकाशन क्र. १२

© दीपा दिनकर मुरकुंडे

पयली उजवाडावणी : एप्रील २००१

उजवाडावपी
दीपा दिनकर मुरकुंडे
श्री हरि प्रकाशन
३८९/अ, शांतिनगर
आर्के-बायश, नावेली, गोंय ४०३ ७०७

अक्षर जुळणी
तन्वी ग्राफिक्स, मडगांव, गोंय

छापणी
प्रिंटआर्ट ऑफसेट् प्रिंटर्स
कुंड्य, गोंय

मुखचित्र आनी भितरलीं चित्रां
वासू

मोल : १६/- रुपया

पूर्वप्रसिद्धी : सुनापरान्त

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1135
A, DEE, P01
1109
Story → Dee
DEE

१.

चिमीचो जल्म

चिमी आमचें अपुरबायेचें कोलूक. चिमीचें आंग चॉकलेट रंगाचें. पांय धवे-धवेच, धवेफुल्ल मेय कशे. चिमीच्या गळ्याभोंवतणी धव्या रंगाचो सैमीक पटो. कपलार सोबीत धवो तिबो. अशें हें चिमी दिसूंक खूब सोबीत, सुंदर. आमी सगळीं चिमूक अपुरबायेन चिमू, चिमणी नाजाल्यार चिमण्या म्हणटात.

आमचें चिमी म्हळ्यार डोबरमॅन, पोमरेनियन वा आल्सेशियन जातीचें कोलूक न्हय. चिमी हें एका रस्त्यार सोडिल्ल्या कोलाचें पील. चिमीची आवय आमकां कशी मेळ्ळी, तो प्रसंग म्हाका आयज लेगीत याद जाता.

त्या दिसा आमी तीनसांजचीं घरा पाविल्लीं. आमी घरा पावंक वीज गेली. सगळेकडेन काळोख जालो. आमचेकडेन बॅटरीदिवो नाशिल्लो. काळखांतूच हांवें घराच्या सोपणाचेर ल्हवू पांय दवरलो. अचकीत कित्याक तरी आडखळून हांवें किळांच मारली - 'ईSS' आनी सोपणावेल्यान ल्हवसो आवाज आयलो - 'भोSS भोSS.'

हांव सुण्याक आपटलें म्हणपाचें आमकां समजलें. हांव भियेलें. हांवें रागाभरशीं म्हळें, 'हट्, हट्, मेलें हें सुणें हांगा कित्याक मरूक आयलां?' हांवें रागाभरशीं पांयांतली व्हाण काडून त्या 'भोS भोS' आवाजा दिकेन सुण्याचेर शेंवटिली. तें सुणेंय भियेलें आनी धांवंक लागलें. इतल्यान वीज आयली. आमकां सगळ्यांक तें काळ्या रंगाचें कोलूक धांवता तें दिसलें.

दुसऱ्या दिसा तें कोलूक आमच्या घरा भायर बशिल्लें दिसलें. तें कोणालें कोलूक काय? गळ्यांत पटो ना. ताका आपोवंकूय कोण येना. म्हळ्यार तें पारपोळ कोलूक जावंक जाय असो आमी अदमास केलो. खंय खाता-जेवतालें देव जाणा! रोखडींच शेजरा वचून चवकशी केले उपरांत कळ्ळें, आमच्या आनीक एका शेजारच्या घरांत भाड्यान रावपी बिराडकारान जिमी नांवाचें कोलूक पोशिल्लें. ते जिमीची ही धूव - ब्लॅकी. तें काळें कुळकुळीत म्हणून ताका

ब्लॅकी नांव दवरिल्लें. ते लोक घर सोडून गेल्ले. वतना तांणी जिमीक व्हेलें. ब्लॅकीक मात थंयच सांडलें.
बरें बरें खावन-जेवन आयिल्ल्या ब्लॅकीक आतां पोटाभरीक रस्त्याकुशीक कोणेंय उडयिल्लें उश्टें खावंचें पडटालें. धड खावंक ना, धड रावंक ना, तें बाबडें सामकें रस्त्यार पडलें. तें जंय जंय वतालें, थंय थंय ताका सगळीं धांवडायतालीं. हेवटेन तेवटेन फिरून आतां ब्लॅकी आमच्या म्हऱ्यांत पाविल्लें.

म्हाका ब्लॅकीची काकुळट दिसली. हांवें ताका दोन चपात्यांचे कुडके करून घालचेलें थारायलें. हांव चपात्यां कुडके ब्लॅकी म्हऱ्यांत घेवन गेलें तेन्ना ब्लॅकी भियेलें. तें सटक् करून उठून म्हाका दुबावान पळोवंक लागलें. हांव ताका मारूंक आयलां अशें ब्लॅकीक दिसलें. तें थंयसावन धांवंक सोदतालें, पूण हांवें ताका आपयलें - 'ब्लॅकीऽऽ योऽ, यो ब्लॅकी योऽ.'

पयल्याच दिसा हांवें ब्लॅकीक मारिल्ल्यान ब्लॅकीचो म्हजेर विश्वास नाशिल्लो. हांव ताका मारत म्हणून तें भियेतालें. हांवें भायरूच चपात्यांचे कुडके घाले आनी हांव भितर गेलें. हांवें घराचें दार बंद केलें आनी ल्हवू जनेलांतल्यान पळयत जाल्यार कितें? ब्लॅकी ल्हवू येवन चपात्यांचे कुडके खाता.

दनपरां, आमी जेवन जातकीर सगळें उश्टें झाडापोंदा उडोवंक म्हूण हांव भायर आयलें. ब्लॅकी कूंऽ कूंऽ करत शेंपडी हालोवन उबें रावलें. हांव ताका खावंक दिवंक आयलां अशें ताका दिसलें. पूण हांव मारत म्हणून ताका भिरांतूय दिसली. ब्लॅकीक खूब भूक लागल्या म्हणचेलें म्हाका ताच्या चेऱ्यावयल्यान कळ्ळें.

ब्लॅकीन परतेंय कूंऽ कूंऽ केलें. 'म्हाकाय भूक लागल्या मगे, तुमी खातात तातुंतलें म्हाकाय इल्लेंशें दिवंचींनात?' अशें ब्लॅकी म्हाका विचारता काय दिसलें. इतल्यांत म्हजी नदर ब्लॅकीच्या पोटाकडेन गेली. तें गाबणें आशिल्लें. म्हळ्यार आतां ताका पिलां जातलीं. ब्लॅकी पारपोळ कोलूक जाल्ल्यान ताची कुयदाद घेवंक कोण नाशिल्लो. पारपोळ कोलूक खरें, पूण जीव न्हय तो ! म्हाका ताची काकुळट दिसली. आमी घरच्यांनी ताका पिलां जायसर जेवंक-खावंक घालचेलें थारायलें. अशे तरेन्न ब्लॅकी जेवन-खावन आमच्याच दारांत पडून रावंक लागलें.

एक दीस सकाळींफुडें पळयत जाल्यार ब्लॅकीक पिलां जाल्यांत. ताका सात पिलां जाल्लीं. तांतलीं दोन मेलीं. दोळे धांपून हातपांय ताणून आपले

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001109

आवयक लुचपी ते इल्ले इल्ले जीव पळोवन आमकां भोव खोशी जाली. पूण हीं इतलीं पिलां कितें करचेलीं? इतल्या पिलांक आमी कशीं पोसतलीं? तांकां इंजेसांवां दिवंक जाय, न्हाणोवंक जाय, खावंक-जेवंक घालूंक जाय. आमी तर इतल्याय पिलांक पोसपा इतलीं गिरेस्त नात. तांकां व्हरून रस्त्यार सोडप म्हळ्यार एक वायट काम करप. तीं रस्त्यार धांवतलीं, दुचाकी वयल्यान वतल्या लोकांक उडोवन तांचे हातपांय मोडटलीं नाजाल्यार मोटारीपोंदा पडून तींच मरतलीं. त्या सुण्यांक रॅबीज नांवाचो रोग जावन तीं लोकांक चाबलीं जाल्यार लोक त्रासांत पडटले. रस्त्यावयल्या पारपोळ सुण्यांची कुयदाद कोण घेना. मागीर तांकां कातडीचे रोग जातात. तीं भुकेन वळवळटात. तांकां कोणूच खावंक घालीना. देखून आमी तीं पिलां मात्शीं व्हडलीं जातकीर तांकां वळखीच्या लोकांकडेन पावोवंचेलें थारायलें.

बंद दोळ्यांचीं, दुदावासान पांय ओडीत आपले आवयकडेन धांवपी तीं पिलां अपुरबायेचीं दिसतालीं. कांय दिसांनी तांणी आपले इल्लु-इल्लुशे दोळे उकते करून जल्म दिवपी आवयक पळयली. तीं पिलां एकामेकांचेर मान घालून गुठली-पोटली करून न्हिदतालीं. ल्हवू-ल्हवू करून व्हड जावपी चांदीमामा सारकीं तीं पिलां व्हड जातालीं. त्या पिलां मजगतीं एक चॉकलेट रंगाचें कोलूक आशिल्लें. ताका हात लावचे पयलींच तें 'ब्यॅक ब्यॅक' करतालें. त्या पिटकुल्याची धिटाय पळोवन आमकां सगळ्यांक तें भौ मानवलें. देखून आमी ताका आमगेर दवरलें. तेंच तें आमचें चिमी - चिमू - चिमण्या !

२.

चिमी व्हड जाता

ब्लॅकीच्या चार पिलांक आमी मोनजात मोगी लोकांचीं घरां सोदून दिलीं. आमचेकडेन उरलीं फकत ब्लॅकी आनी चिमी. एक दीस ब्लॅकी दुयेंत पडलें. आमी ताका वखद-विर्सद केलें. पूण तें जगलें ना. ब्लॅकी मेलें. दोन म्हयन्यांचें चिमी एकटेंच पडलें.

ल्हानपणासावन चिमी खूब हुशार आनी मस्तेंय. ताका भूक लागली आनी दूद वा शीत घालूंक मात्सो कळाव जालो जाल्यार तें आड्डत घर माथ्यार घेतालें - 'म्हाका भूक लागल्या मगे. बेगीन वाड, पोटांत कावळे काव काव करतात पळय.' चिमीच्या पोटांत कावळ्यांनी काव काव केलें म्हणटकीर चिमी भोऽ भोऽ करतालें. तें भोऽ भोऽ करून भोंकपी पिटकुलें चिमी कच्च करून घांस काडीत अशी म्हाका भिरांत दिसताली. जबर आत्मविस्वास आशिल्लें हें कोलूक आमच्या घराचे भायरूच आसतालें. ताका पुठ्ठ्याचें बॉक्स दवरिल्लें. तें पोरसांत एकटेंच खेळ खेळ खेळटालें, नाचतालें, धांवतालें. पुरो जातकीर बॉक्सांत वचून डाराडूर न्हिदतालें.

सकाळीं आमी सगळींच कामाक वतालीं. देखून घर बंद उरतालें आनी चिमी पोरसांत. पूण आमचे स्कुटरीचो आ वाज आयलो रे आयलो, चिमी धांवत येतालें. शेंपडी हालयत भोऽ भोऽ करतालें. चिमी आमकां विचारतालें - 'हें कितें?' सद्दां म्हाका एकट्याक सोडून वचूंक तुमकां बरें दिसता मगे? कितलो वेळ हांवें एकटेंच रावचेलें ?'

भायली गेट उकती करून आमी भितर येवचे पयलींच चिमी आमच्या आंगार उडक्यो मारतालें. आपले इल्लुशे जिबेन पांय चाट्टालें. मागीर आमीय ताका उबारून वेंगेंत घेतालीं आनी सांसपितालीं. चिमू आमचे हात चाट्टालें आनी आपलो मोग उकतायतालें.

'चिमू राऽणी, चिमू शाऽणी' म्हणत आमी चिमूची अपुरबाय करतालीं. ताका खावंक-पिवंक घालतालीं. तेंय मस्तूल आपली अपुरबाय करून घेतालें.

चिमी दिसानदीस व्हडलें जातालें. आमी भायर वचूंक गेट उकती केली रे केली, चिमू पयलींच भायर धांवतालें. 'अशें कितें करता गे? आयज तुमचे वांगडा हांवूय येतां मगे! आयज पूण म्हाका व्हरात मगे!' म्हणत चिमी उडक्यो मारतालें. मस्त्या चिमीक हांव उबारून धरतालें. गेटींतल्यान स्कूटर भायर काडटकीर चिमूक बॉक्सांत घालून हांव बेऽगीन भायर वचून गेट बंद करतालें. चिमी



बॉक्सांतल्यान आपलें पिटकुलें तोंड भायर काडटालें. तें रागान भोऽ भोऽ करून म्हणटालें, 'चल्, कट्टी फूऽ. तुमचेकडेन हांव उलऽयना.' पूण आमी परतीं आयले उपरांत मात चिमी आमच्या मोगान धांवत येतालें, खोशयेन नाचतालें.

सुण्यांक रॅबीज नांवाचो रोग जाता. पूण तांकां रॅबीजच्या रोगाचें वासीन केलें जाल्यार तो रोग जायना. देखून दर एका सुण्याक हें वासीन करप साप्प गरजेचें. हें वासीन केले उपरांत तें सुणें मनशाक चाबल्यार लेगीत मनशाक रॅबीज जायना. सुण्यांक दंतूय जातात. ते खातीरूय तांकां वखद घालचें पडटा. नाजाल्यार सुण्यांक लागून मनशांकूय दंत जावंक शकता. देखून सुण्यांक नितळ-निवळ दवरचें पडटा. तांकां न्हावंक-धुवंक घालचें पडटा.

आमी चिमीक सप्तकांतल्यान एकदां न्हाणयतालीं. तेंवूय पोर बरेंऽ करून शाबू लावन घेवन न्हाणोवन घेतालें. उपरांत ताका, खासा ताचेच खातीर दवरिल्ल्या तुवाल्यान पुसतालीं. ताणें मातयेंत वचून लोळचें न्हय म्हूण ताका वरभर बांदून दवरतालीं. गळ्यांतल्या पट्याक सांखळी घालून चिमीक बांदून दवरतकीर चिमी आड्ड्यो मारून म्हणटालें - 'म्हाका अशें बांदून घालतात? तुमी मात बरींऽ हेवटेन तेवटेन फिरतात. भोऽ भोऽ भोऽ...'

न्हाले उपरांत घडये चिमीक पुरो जातालें. आमी ताका दूद आनी बिस्कीट घालतालीं. चिमी तें सगळें फस्त करून न्हिदतालें. उपरांत आमी चिमीक सांखळी घालून पंदरा-वीस मिनटां फिरोवन हाडटालीं. हरशीं आमी चिमीक सद्दां सकाळीं, दनपरां आनी रातीं धा-पंदरा मिनटां घराभायर फिरूंक व्हरतालीं. थंय तें शीऽ-शूऽ करतालें. सैमान सदळ हातान सोबीतकाय दिल्लें चिमी तोऱ्यान फिरतालें.

चिमी सकाळीं दूद पितालें. तें फांती बिस्कीट वा पाव, नाजाल्यार चपाती खातालें. चिमीक दांत येवंक लागिल्ल्यान ताका कितें मेळटा तें चाबडावचेंशें दिसतालें. देखून फांती बिस्कीट दिली म्हणटकीर ती घेवन तें चाबडायत बसतालें. आतां चिमीक समज आयिल्लो. शीऽ-शू ऽ करचेवेळार तें कूंयऽकूंयऽ आवाज करून आपल्याक गेटी भायर व्हरूंक सांगतालें.

'आतां हांव व्हडलें जालां. हांव पोरसांत घाण करना बाये. म्हाका व्हाळाकडेन व्हर गेऽ. शीऽ-शूऽ करूंक जाय.' मागीर आमी चिमीक व्हाळाकडेन व्हरतालीं. आपलें काम करून चिमी घरा येतालें.

एक दीस घरांतल्या सगळ्या कुडींचीं दारां बंद करून आमी चिमीक बसपाकुडींत मेकळेंच सोडलें. घरा येवन पळयत जाल्यार कितें? चिमीन हें दिसाळें पिंजलां, तें दिसाळें पिंजलां. हांवें बरयल्ली बरपावळ तर ताणें तिस्त्यो तिस्त्यो करून उडयल्ली. तें पळोवन हांव तिडकलें.

'चिम्या पोरा, हें कितें? हांवें बरयल्लें सगळें पिंजून उडयलें?'

'ऊं...ऊं...ऊं...' आवाज करून तकली सकयल घालून आनी कान फाटल्यान घेवन चिमीन म्हळें, 'सॉरी, पूण... पूण तुवें बरयल्लें म्हाका मानवलेंना, देखून हांवें पिंजून उडयलें.' त्या दिसासावन आमी चिमूक 'टिकाकार चिमू' म्हणूंक लागलीं.

चिमी सकाळीं फुडें पाव वा फांती बिस्कीट नाजाल्यार चपाती खातालें. हुमणांतलें नुस्तें, मटण आनी चिकन तर चिमीच्या घोस्ताचें. केन्ना केन्ना शीत दुदान कालोवन घालें तरूय तें जेवतालें. चिमीक मुळ्याची भाजी आनी दाळीचो रोसूय आवडटालो. 'म्हाका बाये नुस्त्याबगर उंडी वचना' अशें तें केन्नाच म्हणनासलें. घडये 'अन्न हें परब्रह्म' हें ताका खबर आसलें. आमी जें कितें ताका वाडटालीं, तें तें चिमी आवडीन जेवतालें आनी खाल्ल्या अन्नाक जागतालें.

चिमीक आमी सद्‌दां फिरूंक व्हरतालीं. आमच्या घरा सामकार सगळें उकतें मळ आसा. थंय व्हाळ व्हांवता. थंय हांव चिमीक मेकळें सोडटालें. म्हगेल्यो कांय शेजान्नी आपापल्या सुण्यांक वा कोलांक थंय हाडून सोडटाल्यो. तेन्ना ह्या सुण्या-कोलकांची इश्टागत जाताली. तीं खेळटालीं, धांव धांव धांवतालीं. चिमीन रोखडेंच येवचें म्हणून हांव बोंबले देठासावन आड्डतालें - 'चिऽमीऽ, चिऽमू, चिऽम्याऽऽ, मस्त्याऽऽ योऽऽ.'

पूण आपल्याच नादांत आशिल्ल्या चिमीक कितेंय सांगप म्हळ्यार उमथ्या कळशार उदक ! चिमी आपलें तेंच खरें करतालें. आपल्या इश्ट-इश्टिणींच्या चोम्पांत पावलें म्हणटकीर भोऽभो, कूंऽऽ कूंऽऽ करून, एकामेकांक गुड्डावन तांच्यो गजाली जाताल्यो. उपरांत तांची धांवचेली रेस म्हळ्यार धा-पंदरा मिनटां तरी सहज वतालीं.

'भोऽ भोऽ भोऽ - आनीक मात्शें खेळटां गे हांव...' अशें म्हणून चिमी धांवतालें.

३.

चिमी, स्वीटी आनी टिंकू

एक दीस म्हजे धुवेन एक माजरा पील हाडलें. आपल्या म्हींवाळ वागण्यान आमचें मन जिखपी त्या पिलाचें नांव आमी 'स्वीटी' दवरलें. आमी सगळीं स्वीटीक घेवन ताची अपुरबाय करूंक लागलीं, ताका खेळोवंक लागलीं. ताका लागून घरांत बोवाळ जालो. इतलो वेळ चिमी भितर न्हिदिल्लें. आमचो बोवाळ आयकून भोऽ करीत तें भायर आयलें. ताणें भोऽ भोऽ भोऽ करीत विचारलें,

'कितें जालां गे? इतलो बोवाळ कित्याक करतात?'

'चिमी, योऽ', हांवें चिमीक आपयलें. चिमी म्हजेसरीं आयलें. इतल्यान ताणें म्हजे मांडयेर बशिल्ल्या स्वीटीक पळयलें आनी ताका तिडक मारली.

'गुर्ऽ गुर्ऽ भोऽ भोऽ भोऽ, आब्बा! हांव हांगा आसतना हें गे कोण तुजे मांडयेर बसलां?' म्हणत चिमीन कपलाक मिरयो घाल्यो. गुर्ऽ गुर्ऽ आवाज करून ताणें स्वीटीकडेन दुस्मानकायेन पळयलें.

'चिमण्या, मस्ती करनाका राजा, स्वीटीकडेन इश्टागत कर आं. झगडीं केल्यार मात तूं मार खातलें. आमकां तुमी दोगांय जाय शाण्या.' हांवें चिमीक अपुरबायेन सांसपीत सांगलें.

पूण म्हजें आयकल्यार चिमी तें कसलें ! ताणें सदांच स्वीटीचो दुस्वास केलो. स्वीटीकूय चिमीक तिडावंक मज्जा दिसताली. चिमी न्हिदलें म्हणटकीर

स्वीटी चिमीचे शेंपडेक दावकूल मारतालें. स्वीटीन दावकूल मारतकीर चिमी गुर्ऽ करून ताका व्हडल्यान धेंगसो घालतालें. म्हणटालें, 'स्वीट्या, मस्त्या, म्हाका न्हिदूंक दिना? राव राव, तुका मारतांच पळय.' चिमी तिडकीन स्वीटीक मारूंक वतालें, पूण स्वीटी इल्लुशें आशिल्ल्यान बसपा कुडींतल्या मदल्या कोंरातिल्ल्या लाकडी पान्या पोंदच्यान हांगासून थंय आनी थंयसून हांगा धांवतालें. बाबडें चिमी आंगान व्हडलें. तें मदल्या पान्या पोंदसून वचूंक शकनाशिल्लें. चिमी पान्याक वळसो घालून हेवटेन येतासर स्वीटी तेवटेन आनी चिमी तेवटेन पावतासर स्वीटी हेवटेन. अंतीं चिमी उबगतालें आनी व्हडा व्हडान भोऽ भोऽ, गुर्ऽ गुर्ऽ करून म्हणटालें - तूं ल्हान आसा म्हूण हे खेपे तुका सोडटां, पूण चड मस्ती करनाका. फुडले खेपे हांव तुकाओगी रावचेंना. पयलींच सांगतां.' आनी तांचीं हीं झगडीं खुबदां जातालीं.

स्वीटी रोखडेंच व्हडलें जालें. ताका पिलां जालीं. स्वीटी माजर आपल्या

पिलांक बरेऽ तरेन सांबाळटालें. केन्ना केन्ना चिमी पिलांक गुर्रऽ गुर्रऽ करून भेशटायतालें. तेन्ना स्वीटी चिमीक ओगी रावनासलें. चिमीक जोरान दावकूल मारून सांगतालें, 'चिम्या, म्हज्या पिलांचे वाटेक वचूंनाका, तांकां त्रास दिशी तर म्हजेकडसून असो मार खातलें आं!'

येऽदें व्हडलें चिमी, पूण स्वीटीक भियेवन ओगी बसतालें. स्वीटीचीं पिलां व्हडलीं जातकीर आमी शेजरा-पाजरा दिलीं. फकत एकट्या टिंकूक दवरलो. टिंकू बुकीचो घरांतलो व्हडलो दुस्मान म्हळ्यार आमगेलें चिमी. चिमी टिंकूक नाकापुरो करून सोडटालें. ताका भेशटावन ताचो जीव खातालें. चिमी बसलां थंयसावन टिंकू गेल्यार लेगीत गुर्रऽ गुर्रऽऽ आवाज काडटालें. टिंकू पोर भितालो आनी फूऽज्यो काडटालो.

टिंकू खूब मस्तो आशिल्लो. तो चिमीक भियेतालो खरो, पूण ताचे वाटेक गेले बगर रावनासलो. एकदां चिमी सुशेगाद बशिल्लें. आपलें आंग जमनीक तेंकोवन, दोळे बंद करून, आपलें नाक फुडें काडून बशिल्लें. तें तशें बसलां तें पळोवन टिंकूक मजा दिसली जावंये. ताणें चिमी म्हन्यांत वचून ताच्या नाकाक दावकूल मारलें आनी ताका पळयत रावलो. गुर्रऽ गुर्रऽ आवाज करीत चिमीन दोळे उकते केले आनी टिंकूचेर धेंगसो घालो - 'भोऽ भोऽ भोऽ... वेंतभर पिलांट्या! तूं म्हजीं फकाणां करता? केन्नाचो रे तूं? आं? गुर्रऽ गुर्रऽऽ... म्हाका तिडक मारल्यार म्हज्या एका घांसाक पावचो ना तूं. जाणा जा.'

भोऽ भोऽ भोऽ करीत चिमी उठलें म्हणटकीर टिंकू कडकडटालो आनी 'म्याँव म्याँव म्याँव... देवा वाटाय रे म्हाका!' म्हणत जीव वाटावंक धांवतालो.

मागीर हांव टिंकूक उबारून घेवन हयन्हयशें थापट मारून धेंगसो घालतालें - 'टिंकू, चिमीचे वाटेक गेल्यार तूं मार खातलो आं ! पोरा, तुका जीव नाकासो जाला काय कितें?' तरीपूण मस्तो टिंकू सरसर करून म्हज्या खांद्यार चडून बसतालो आनी म्याँव-म्याँव म्हणून चिमीक कूय-कूय करून चाळयतालोच.

आमी टिंकूक घरांत जेवंक घालतालीं आनी चिमीक घरा भायर. टिंकू ल्हवूच चिमीचे ताटलेकडेन वतालो आनी चिमीचो धेंगसो खातालो - 'गुर्रऽऽ कोण रे तो म्हजें शीत खावंक आयला?'

चिमीचो धेंगसो पडलो रे पडलो, टिंकू फूऽज्यो. तरीपूण सद्दां उठून तीच काणी.

केन्ना केन्ना स्वीटी ल्हान-व्हड हुंदीर मारून हाडटालें आनी खावंक बसतालें. चिमी कूंऽ कूंऽ आवाज करीत स्वीटी म्हन्यांत वतालें आनी विचारतालें, 'शी! कितें खाता गो तूं?' 'म्याँ... आं... म्याँ...' स्वीटी आपलो हुंदीर दावकुलान घट धरून जाप दितालें. 'शी कितें! तुका हुंदीर धरूंक येना म्हूण म्हणटा तूं. एकदां खावशी तर आमकां माजरांक हुंदीर मेळचेनात.'

'भोऽ भोऽ भोऽ... हुंदीर खावंक म्हाका नाकाच जाल्यार...' चिमीय परती जाप दितालें.

'म्याँ... आं...म्याँ... जाणां जाणां, कोल्याक द्राक्षां आंबट, आनी कितें?' म्हणत स्वीटी हुंदीर चाबडायतालें. चिमी ताका पळयत बसतालें.

एकेकदां चिमी आनी स्वीटी पोरसांत एकामेकां फाटल्यान धांव धांव धांवतालीं. स्वीटीची उमेद भागली म्हणटकीर स्वीटी दुरगाचेर चडून चिमीक 'म्याँव, म्याँव... कूय कूय' करतालें. बाबड्या चिमीक दुरगाचेर उडी मारूंक जमनाशिल्ली. तें शेंपडी हालयत 'भोऽ भोऽ स्वीट्या, मस्त्या हांगा यो तर खरें! दुरगाचेर बसून झेत सांगनाका' म्हणत ल्हवूच येवन सपणांचेर बसतालें. थंय बसून स्वीटीक पळयतां पळयतां सुशेगाद न्हीद काडटालें.

अशे तरेन चिमी, स्वीटी आनी टिंकू आमची मनरिजवण करतालीं.

४.

चिमी आवय जाता तेन्ना

चिमी आतां तरणाटें जाल्लें. ताका सोदूंक ताचे कांय इश्ट दारांत घुटमळटाले. मोती नांवाचो सुणो तर चार-चार दीस जेवनासतना आमच्या दारांत चिमीची वाट पळयत बसतालो. म्हणटालो, 'कूं... कूं... ए चिमी, म्हाका तूं खूब आवडटा. म्हजे वांगडा लग्न जावशी?'

पूण आमच्या चिमीक तो दोळ्यां मुखार नाका आशिल्लो. तो दिसलो रे दिसलो, चिमी ताच्या आंगार गुरगुरून वतालें. 'भोऽ भोऽ भोऽ ऊंई... भोऽ,

तुका हांव आवडलें म्हूण कितें जालें? म्हाका तूं आवडना. ओगीच म्हाका त्रास दिवंनाका हां!'

एक दीस चिमूक घेवन भायर फिरूंक वचूंक म्हूण दार उगडलां मात, चिमीन धांव मारली. पळयत जाल्यार सात-आठ सुण्यांचें भिरें. चिमी एकेका सुण्याचो वास घेत दुसऱ्या म्हन्यांत वतालें. घडये चिमीचें 'स्वयंवर' चलिल्लें. स्वयंवराच्या माटवांत जशी राजकन्या एकेका राजकुंवराक नापसंत करून आपले पसंतीच्या राजकुंवराच्या गळ्यांत माळ घालताली, तशेंच चिमीन केलें. आपले सारक्या चॉकलेट रंगाच्या सुण्याक ताणें पसंत केलो. दोगांय उडक्यो मारीत त्या सुण्यांच्या चोम्यांतल्यान नाच्च जालीं. बाबडो मोती !

चिमीकडल्यान शिकपासारकें खूब आसा. खंयचींय कोलकां वा सुणीं चिमीचे वाटेक वचनात. कित्याक तर उपाट आत्मविस्वास आशिल्लें बळिश्ट चिमी कोणाचेंच खपोवन घेना. तें भोऽ भोऽ करून तांकां सांगता - 'चल हट! म्हजे वाटेक वचुंनाकात. तुमचेकडसून कितेंय सोंसून घेवंक हांव दुबळें न्हय. बळिश्टाचे वाटेक वचचेलें पिशेपण करूंनाकात. भोऽ भोऽ भोऽ, भोऽऽऽ.'

चिमीच्या भोऽ भोऽतल्यान उतरां घुमतात - 'दुर्बळ दुर्बळ म्हूण पिरंगुंनाकात. म्हजेवरी बळिश्ट जायात. मागीर कोणूच तुमचे वाटेक वता जाल्यार सांगात.' चिमीची धिटाय आनी आत्मविस्वास म्हाका आवडटा.

चिमी आतां आवय जावचेलें आसा हें अचकीत म्हज्या लक्षांत आयलें. चिमीची खावंचेली आवडूय बदलिल्ली. ताका गोड आवडूंक लागिल्लें. म्हजे परीन हांव चिमीची अर्थअपुरबाय करतालें. गाबण चिमी तेय अवस्थेंत आपली सगळी मस्ती आनी उपद्व्याप करतालें. खंय खट्ट जावचे पयलीं आमकां जाग हाडटालें.

दोन म्हयन्यां उपरांत चिमीन तीन पेट्यांक जल्म दिलो. तिनूय पिलां चिमी सारकींच चॉकलेट रंगाचीं जाल्लीं. उपरांत एक पील मेलें. उरलीं तीं दोनूच पिलां. एक सुणो आनी एक कोलूक.

हांवें चिमीक म्हळें, 'चिम्या पोरा, दोनूच पिलां गो? हरशीं कोलकांगेर पांच-स तरी पिलां जातात मगो!'

चिमीन भोऽ भोऽ करून जाप दिली. 'हांवूय टी.वी. पळयतां न्हय! म्हगेर तीन पिलां जाल्लीं खरीं. पूण हम दो, हमारे दो. छोटा परिवार, सुखी परिवार हें

म्हाकाय बी खबर आसा बाये!' चिमी आमचे बसपाकुडीत येवन टी.वी. पळयता हें खरें.

चिमूचीं पिलां चिमू सारकींच चॉकलेट रंगाचीं आनी सुंदर सोबीत जाल्लीं. पेटो आंगान गुबगुबीत आशिल्लो. आमी ताचें नांव गुड्डू दवरलें. निळ्या निळ्या दोळ्यांच्या, चॉकलेट रंगाच्या, पिटकुल्या कोलाचें नांव 'चिंटू' दवरलें. पिटकुलो गुड्डू आनी पिटकुलें चिंटू आवयचें दूद पिवन न्हिदतालीं. तीं इल्लीं इल्लीं करून व्हडलीं जातालीं.

चिमूचीं पिलां ल्हान आशिल्लीं तेन्ना चिमी तांकां दूद दितालें, अपुरबायेन चाट्टालेंआनी तांकां आपले वेंगेंत घेवन न्हिदतालें.

एक दीस हांवें चिमीक फिरूंक व्हेलें आनी तें मस्तें धांवलें. 'चिऽमीऽ', हांवें चिमीक आपयलें. पूण तें आपल्याच नादांत धांवतालें.

'चिऽमीऽ', हांवें परतीय हेलांट मारली. 'यो गो बाये यो, तुगेलो गुड्डू आनी चिंटू तुका हुस्केतलीं.'

चिमी उडक्यो मारीत आयलें. म्हज्या पायांत नाचत कूंऽ कूंऽ केलें. म्हाका हुलकावणी दीत घरा दिकेन धांवलें. म्हणूंक लागलें, 'भोऽ भोऽ भोऽऽऽ तसो म्हाकाय म्हज्या पिलांचो हुस्को आसा हां !'

चॉकलेट रंगाच्या सोबीत आनी हुशार चिमीचीं पिलां शेजाऱ्यांनी मागिल्लीं. चिमीचो गुड्डू आनी चिंटू आमी मोनजात मोगी घरांनीच दिवचेलें थारायलें. तीन म्हयने जाले उपरांत हांवें एका शेजाऱ्याक गुड्डू दिलो. आतां चिंटू एक्टेंच आवय म्हऱ्यांत उरलें. देखून ताका आवयचें भरपूर दूद मेळ्ळें. चिंटूचो चॉकलेट रंग आनिकूय तिकतिकपाक लागलो. चिंटूक आमी अपुरबायेन उबारून घेतालीं

आनी सांसपितालीं. चिंटूय आपले इल्लुशे जिबेन आमचो हात चाटून आपलो मोग उकतायतालें.

आमी गुड्डूक एका शेजाऱ्याक दिल्लो. पूण चिंटूक व्हरूंक एक दीस पयसुल्ली इश्टीण आयली. चिंटूक दिवंक म्हज्या जिवार आयलें. मन घट करून चिंटूक म्हजे इश्टिणीक दिलें. गुड्डू घरांतल्यान गेलो तरी चिंटू आशिल्ल्यान चिमीक आपलें एक पील ना म्हणचेलें तितलें जाणवूंक नाशिल्लें. पूण चिंटू वतकीर मात ताणें दीसभर चिंटूक हांगा थंय सोदलें. कूंयऽ कूंयऽ करून म्हाका विचारलें, 'म्हजें चिंटू खंय गे? लिपलां काय कितें?'

चिमीक वेंगेंत घेवन अपुरबायेन सांसपीत हांवें सांगलें, - 'चिमू, तूं चिंटूचो हुस्को करूंनाका. आमी ताका ताचो मोग आनी अपुरबाय करपी मोनजात मोगी मनशांकडेन दिलां.'

चिमीक तें समजलें जावंक जाय. चिमीन म्हजो हात चाटीत म्हळ्ळें, 'कूंऽ कूंऽ... हय मगे, तशें जाल्यार म्हाकाय ताचो हुस्को ना.'

उपरांत चिमीन केन्नाच आपल्या पिलांक सोदलींना आनी तें सदचे वरी मस्ती आनी उपद्व्याप करूंक लागलें.

५.

चिमी - एक प्रामाणिक राखणो

चिमी ल्हान आशिल्लें तेदेवेळार हांवें मेय (बूट घालचे पयलीं पांयांक घालतात तो) घेवन, तातूंत कपड्याच्यो तिस्त्यो घेवन बॉल केल्लो. हांव तो बॉल चिमीक दाखोवन ताका उलो मारतालें. 'चिमीऽऽ'. उपरांत तो बॉल पयस उडयतालें. आनी 'चिमी छूऽऽ' म्हणटालें आनी बॉलाकडेन बोट दाखयतालें. आपणें धांवत वचून तो बॉल हाडूंक जाय म्हणचेलें चिमीक समजतालें. अशे तरेन 'चिमी छू' म्हूण खंयचेय वस्तूकडेन बोट दाखयतकीर चिमीक आपणें ती वस्त धरून हाडूंक जाय म्हूण समजतालें.

आमच्या घरा सामकार आशिल्ल्या उकत्या मळा म्हऱ्यांत एक व्हाळ व्हांवता. व्हाळांतलें नुस्तें गरोवंक खूब जाणां येतात. ते नुस्तें गरोवन घेवन वतात. एकदां तिनसांजे हांव चिमूक घेवन घरा येतालें. ताणें काजू झाडाकडेन पळोवन भोऽ भोऽ केलें. कशेंच घरा येना. भोऽ भोऽ करून चिमी कितें सांगूंक सोदता तें म्हाका कळना जालें. सगळो वेळ भोऽ भोऽ करून चिमी आड्डता. तें आयकून खुबशे शेजारी एकठांय जाले. त्या दिसांनी आमच्या वाड्यार खूब चोरयो जाताल्यो. देखून सगळीं सादूर रावतालीं. आमी सगळीं एकठांय जावन काजू झाडाकडेन वचपाक लागलीं. इतल्यान काजू झाडावयल्यान पुटपुट करून दोगा तरणाट्यांनी उडी मारली. कितें म्हूण कळचे पयलींच ते धांवत सुटले. हांवें आकांतान 'छूऽऽ' म्हळ्ळें. चिमी तांचे फाटल्यान धांवत सुटलें. पूण तांणी खांचींत लिपोवन दवरिल्ले स्कुटरीर बसून ते नाच्च जाले. ते कोण आशिल्ले देव जाणा!

चिमी भोऽ भोऽ करीत तांकां धरूंक तांचे फाटल्यान धांवलें. पूण ते स्कुटरीवयल्यान गेल्ल्यान चिमीक तांकां धरूंक आयलें ना. तरी पूण भोऽ भोऽ करीत चिमी आड्डत रावलें.

'पळयलें मगे, काजू झाडार कोण तरी येवन बसल्यात म्हूण हांव सांगतालें. कशे पळून गेले पळय.' सगळे शेजारी चिमीची तोखणाय करीत घरा गेले.

कोणेंय आमच्या घराचे गेटीक हात घालो रे घालो, चिमी रोखडेंच ताका विचारता, 'भोऽ भोऽ, कोण जाय तुका?' उपरांत घराचे दिकेन तोंड करून सांगता, 'भोऽ भोऽ, कोण आयला पळय गे.' चिमीक लागून कोणूच सट्ट करून गेट उकती करून भितर येना. भायरूच रावन गेट वाजयता. अशे तरेन चिमी आमचें घर राखता.

एके राती चिमीच्या भोऽभोऽन आमकां जाग हाडली. रातचीं अडेज वरां जाल्लीं. इतल्यांत 'चोरऽ चोऽर' अशो हेलांट्यो कानार पडल्यो. हांवें जनेल

उकतें केलें. व्हडा व्हडान उले मारून आमच्या शेजाऱ्यांक उठयले. प्रत्येक घरांतल्यान दादले दांडे घेवन भायर सरले.

पळयत जाल्यार कितें? कॉलनींतल्या राखण्याचेर चोरांनी हल्लो केल्लो. राखण्यान एका चोराक घट्ट धरिल्लो आनी तो आदारा खातीर आड्डतालो. दुसरो चोर आपल्या इश्टाक राखण्यान सोडूंक जाय म्हूण राखण्याक बडयतालो.

दीसभराच्या कामाच्या शिणान सुस्त न्हिदिल्ल्या आमच्या कानां मेरेन तीं उतरां खंयच्यान पावचेलीं? पूण तो बोवाळ चिमीन आयकलो आनी आमकां सांगलें, 'भोऽ भोऽ उठात, उठात, न्हिदल्यांत कितें? बेगीन उठात आनी चोराक धरात.' चिमीच्या भोंकपाक लागून आमी जागीं जालीं आनी राखण्याच्या आदाराक गेलीं. आमी येतात तीं पळोवन एक चोर पळून गेलो. सगळ्यांनी मेळून राखण्यान धरिल्ल्या चोराक बांदून घालो आनी उपरांत ताका पोलिसांकडेन दिलो.

अशींच आनीक दोनदां चिमीन आमकां उठयल्यांत आनी चोरी जावचे पसून वाटायल्यांत. चिमूची हुशारी पळोवन हेर शेजाऱ्यांनीय सुणीं पोसल्यांत. खुबशा जाणांनी कोलकां पोसल्यांत कारण कोलकां हुशार आसतात. आतां आमच्या वाठारांत चोरयो जायनात.

अशे तरेन चिमून आपूण एक 'प्रामाणिक राखणो' म्हणचेलें साबीत केलां.

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001109

६.

चिमी आतां म्हातारें जालां

भोऽ भोऽ भोऽ भोऽ... मार्गावयल्या सुण्यांच्या सुरांत सूर मेळोवन आमचें चिमीय भोऽ भोऽ करता तें हांवें सांजवेळा आयकलें. हातांतलें काम दवरून हांव भायर आयल्यार चिमी भोऽ भोऽ करीत म्हजेसरीं येवन गेटीकडेन धांवलें. 'भोऽ भोऽ... पळय गे, हें तें नवेंच कोलूक आयलां. हे ते चार-पांच सुणे ताका त्रास दितात पळय... भोऽ भोऽ...'

हांवें रस्त्यार पळयत जाल्यार हळडुव्या रंगाचें एक कोलूक आपलो जीव घेवन हेवटेन तेवटेन धांवता. चार-पांच सुणे ताच्या फाटल्यान लागल्यात. हांवें एक कोण्या बडी हातांत घेवन रस्त्यार येवन जोरांत आपटिली आनी 'हाड्, हड्त' म्हळें तशे ते सुणे भियेवन दुसरे वटेन धांवले. म्हज्या हातांत कोण्या बडी पळोवन तें कोलूकय भियेलें. गेटी भितर चिमीय आड्डतालें. ताका तें नवें कोलुकूय नाका आशिल्लें आनी ते सुणेय बी.

सुणे वतकीर हांव घरांत आयलें. चिमीय आड्डून आड्डून खरशेवन वोगी बसलें. रातीकडेन हांव चिमीक जेवण घालूंक आयल्यार गेटी भायर तें हळडुव्या कोराचें कोलूक दिसलें. ताचे दोळे ताचें दुख्ख उकतायताले. ताचो चेरो ताका भूक लागल्या म्हणचेलें सांगतालो आनी पोट... पोट तें गाबणें आसा म्हणचेलें सांगतालें. चिमीक घाल्ल्या शिताकडेन तें आशेन पळयतालें.

चिमीन त्या कोलकाकं पळयलें आनी 'गुर्रऽऽ गुर्रऽ ए, तूं हांगासावन वच आं!' म्हळें.

पूण म्हाका त्या गाबण कोलकाची काकुळट दिसली. हांवें थोडें शीत हुमणान कालयलें. तें दुसरे बशयेंत घालून ती बशी गेटी भायर दवरली. त्या कोलकाक बरीच भूक लागिल्ली. तें दपत दपत आयलें आनी ताणें सगळें शीत फस्त केलें.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं चिमीक घेवन घराभायर वचत जाल्यार, तें कोलूक गेटी भायर बसलां.

'भोऽ, भोऽ भोऽ, गुर्रऽ गुर्रऽ, एऽऽ... तूं हांगासरलें बरे भशेन वता काय ना?' चिमीन ताका आड्डून विचारलें.

तें हळडुव्या कोराचें कोलूक भियेवन 'ऊं... ऊं... ऊं... जावं गो, हांव मात्शें हांगा बसतां. म्हज्यान नजो जालां' म्हणूंक लागलें.

'चिमीऽ, तूं ताचे वाटेक वचूं नाका. तें तुका खंय आडखळटा गो? आं?' हांव चिमीचेर धेंगुशेलें.

'चिम्या पोरा, तें पारपोळ कोलूक. ताका घर ना दार. आतां तर तें गाबण आसा. तें गरीब म्हूण तूं ताचेर ताणशेवंनाका. तुजे सारकोच तोवूय एक जीव मगो?' हांवें चिमीक समजायलें.

'कूंऽ कूंऽ कूंऽ...हांव आसतना तेंवूय कित्याक जाय गे?' चिमीन दुस्वासान

विचारलें.

'चिम्या शाण्या, तुमी दोगांय मेळून आमचें घर राखात मगो. तूं आमचें चिमी आनी तें आमचें जिमी. कळ्ळें?' हांवें चिमीक सांगलें.

पूण चिमीन सदांच जिमीचो दुस्वास केलो. ल्हवू ल्हवू हांवें जिमीक गेटी भितर खावंक घालूंक सुरवात केली. चिमीक आनी जिमीक हांव एक सारकेंच जेवण घालतालें. पूण दुस्वासी चिमी आपले ताटलेंतल्या जेवणाचो वास घेवन जिमीचे ताटलेंतलें जेवण खावंक धांवतालें. जिमीचो राग राग करतालें. तें दिसचे पयलींच 'भोऽ भोऽ भोऽ... तूं वच हांगचें' म्हूण आड्डतालें.

बाबडें जिमी, चिमीचे त्रास सोंशीत दीस काडटालें. एक दीस जिमीक अपुरबायेचींच चार पिलां जालीं. एक दीस चिमीन तांकां पळयलीं आनी तें तांचेसरीं गेलें. 'गुर्रऽ गुर्रऽ... हीं आनी कोण?' अशें म्हणून चिमीन तांचो वास घेतलो. तीं इल्लुइल्लुशीं पिलां पळयल्ल्या दिसासावन चिमी बदललें आनी ताणें जिमीक सतावचेलें सोडलें.

अचकीत म्हज्या लक्षांत आयलें, चिमी न्हाणोवन घेवंक आळसाय करता. हरशीं गेट उकती जावचे पयलीं भायर धांवपी चिमी, फिरूंक वचूंक वाजेता. ताचें जेवण-खाण लेगीत उणें जालां. चिमीची ल्हंव चडूच गळपाक लागल्या. आमी ताका जनावरांच्या दोतोराक दाखयलें. दोतोरान सांगलें, सुण्यांचें जिवीत अशेंतशें धा ते बारा वर्सां. चिमीक आतां धा वर्सां सोंपल्यांत. तें आतां म्हातारें जालां. मनशाक जशें जाण्टेपणांत सुशेगाद रावन दिसता, चड काम करूंक जायना, खंयूय फिरपाक वचचेली उमेद उरताच अशें ना, तशेंच चिमीचें जालां. चिमीक कसलेंच दुयेंस जावंक ना.

एके वटेन चिमीक कसलेंच दुयेंस जावंक ना म्हूण आमकां खोस जाली, आनी दुसरे वटेन आमचें अपुरबायेचें चिमू म्हातारें जालां म्हूण कळटकीर वायट दिसलें.

जिमीचीं पिलां व्हडलीं जातकीर आमी तांकां [illegible]नजात-मोगी घरांनी पावयलीं. आतां चिमी आनी जिमी दोगांच उरलीं. चिमी [illegible]रसांत फुडले वटेन पडून न्हिदो काडी जाल्यार जिमी आमच्या माऊ वांगडा खेळटालें आनी दोगांय तापोवणी खायसर पोरसांत धुमशेणां कांडटालीं.

एक दीस टीण् टीण् करून गेट वाजयल्ल्याचो आवाज आयलो. चिमीन

दोळे धांपिल्लेकडेन, आसा थंयसून ल्हवू आवाजान ‘भोSS’ करून विचारलें - ‘कोण तो?’ तें पळोवन जिमीन व्हडा व्हडान म्हाका सांगलें - ‘भोSS, भोSS, भोS भोS:.. पळय गे गेटी म्हन्यांत कोण आयला तो.’

आतां चिमीचें काम जिमी करता. उपरांत जिमी चिमी म्हन्यांत वचून चिमीची वासपूस करता.

‘कूंS कूंS कूंS.. चिमूताई, तुका जिवाक बरें ना जाल्यार तूं न्हीद आं! हांव तुजें सगळें काम करतां. तुवें म्हाका हांगा रावंक दिलें म्हूण हांव तुजे उपकार मानतां.’

‘ऊं... ऊं... ऊं... सुरवेक हांवें तुका त्रास दिले म्हूण म्हाकाय वायट दिसता गो जिमूबाय...’ चिमी जिमीक सांगता.

‘कूंS कूंS... ना गो चिमूताई, तूं म्हाका वळखनाशिल्लें. मागीर ओगीच कशें आपणायतलें? म्हाका तुजो राग ना, मोग आसा’ अशें म्हणत जिमी चिमीक वेंगावन बसता. जिमीचेर घर राखचेलो सगलो भार सोंपोवन चिमी सुस्त न्हिदता.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1135

A
WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: चिमी
Chimi
Short Stories

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ______________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

श्री हरि प्रकाशनान उजवाडायिल्लें साहित्य

१.	उमजणी	कथा	दीपा मुरकुंडे
२.	जिवीत एक तियात्र	नाटकुलीं	शॅरोन माझारेलो
३.	चौफूल	नाटकुलीं	माया खरंगटे
४.	पिटकुलीं नाटकुलीं (पयली उजवाडावणी: ऑगस्ट १९९८) (दुसरी उजवाडावणी: डिसेंबर १९९९)	नाटकुलीं	दीपा मुरकुंडे
५.	भौरंगी जीण	निबंध	दीपा मुरकुंडे
६.	मोराची करामत	नाटकुलीं	रजनी भेंब्रे
७.	आंकवार काजारी	नाटक	रवींद्र नमशीकार
८.	नुपी	काणयो	दीपा मुरकुंडे
९.	रानांतल्यो काणयो	काणयो	नयना आडारकार
१०.	घोंटेर	कथा	माया खरंगटे
११.	दुरीग	तियात्र	विल्मिक्स विल्सन माझारेलो
१२.	चिमी	काणयो	दीपा मुरकुंडे
१३.	हिरन आनी वांस्वेल	काणयो	नयना आडारकार
१४.	डॅडी	नाटक	दत्ताराम दा. कामत बांबोळकार